गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 4 वर्स 2024**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तिचेर बदली केल्ली पदां सोडून हेर सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 26-04- 2024 आसा. फकत प्रतिनियुक्तिचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 26/05/2024 आसा.**

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांत" नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I.दक्षता संचालनालय

**तंत्रिकी परिक्षक, प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवीं (Technical Examiner, by Transfer on deputation) ----- 2 पदां (अनारक्षीत) (4 थे फावटी)**

**वेतन श्रेणी टप्पो - 11**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** केंद्र /राज्य सरकार आनी केंद्र शासीत प्रदेश क्षेत्रांत अनुरूप श्रेणीतलीं पदां धारण केल्ले अधिकारी:

**(a)** (i) कार्यकारी अभियंतो वा तत्सम; वा

(ii) सहाय्यक कार्यकारी अभियंतो वा तत्सम श्रेणींत 5 वर्सांची सेवा आशिल्लो; वा

(iii) सहाय्यक अभियंतो वा श्रेणीत 8 वर्सांची सेवा सयत तत्सम; आनी

**(b)** मान्यताय प्राप्त विद्यापिठातल्यान नागरी अभियांत्रिकीची पदवी वा तत्सम आनी प्राध्यान्यान संशोधन संस्थेत काम करपाचो अणभव आसूंक जाय. (प्रतिनियुक्तिच्या कालावधी सयत तेच संघटणेंत/खात्यांत हे नेमणूके आदीं आशिल्ल्या दुसर्या आदल्या कॅडराच्या पदाचेर प्रतिनियुक्तिचो कालावधी 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**II. विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान आनी कोयर वेवस्थापन खातें**

**प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवीं (By Transfer on Deputation)**

**उप संचालक (तकनिकी), प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवींDeputy Director, (Technical) by transfer on deputation ------ 1 पद( अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी टप्पो - 11**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** केंद्र/राज्य सरकार /केंद्रशासीत प्रदेश प्रशासकीय/ भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम/ म्हामंडळ / स्वायत्त संस्था/वैधानीक संस्था मान्यताय प्राप्त संस्थे अंतर्गत अधिकृत समान पद धारण करपी.

**थेट भरती वरवीं**

**(1) सहाय्यक संचालक (Assistant Director) …… 2 पदां (अनारक्षीत) 2 पदांतलीं 1 पद दिव्यांगाक खातीर आरक्षीत आसा. (सेलेब्रल पाल्सी, कुश्ठरोगातल्यान बरें जाल्ल्यांक, गिड्डो, ऍसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर दिव्यांगताय (दिव्यांगताय वर्गातल्या उमेदवारांची उपलब्धताय ना जाल्यार, समान संख्येतली पदां अनारक्षीत श्रेणीतल्यांक रिक्त दवरतलें)**

**वेतन श्रेणी: टप्पो- 10**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठ/ संस्थेतल्यान नागरी/यांत्रीकी वा तत्सम अभियांत्रिकींत पदवी (ii) संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्साचो अणभव आसूंक जाय.

वा

(1)(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठ/ संस्थेतल्यान नागरी/यांत्रीकी वा तत्सम अभियांत्रिकींत पदवी

(ii) संबंदीत क्षेत्रांत तीन वर्साचो अणभव आसूंक जाय.

(2) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** - मान्यताय प्राप्त विद्यापिठ/ संस्थेतल्यान नागरी/यांत्रीकी वा तत्समांत डॉक्टरेट.(2) कोयर वेवस्थापनांत अणभव (3) भौगोलिक (जीआयएस) रिमोट सेन्सिंगाचें गिन्यान आसूंक जाय. (4) मराठीचें गिन्यान.

**2. तकनिकी अधिकारी 2 पदां (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी: टप्पो- 10** **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक: (1)** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठ/ संस्थेतल्यान नागरी /यांत्रिकी वा तत्सम अभियांत्रिकींत पदवी (ii) संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्साचो अणभव आसूंक जाय.

(1)(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठ/ संस्थेतल्यान नागरी/यांत्रीकी वा तत्सम अभियांत्रिकींत पदवी

(ii) संबंदीत क्षेत्रांत तीन वर्साचो अणभव आसूंक जाय.

(2) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** - मान्यताय प्राप्त विद्यापिठ/ संस्थेतल्यान नागरी/ यांत्रीकी वा तत्समांत डॉक्टरेट.(2) कोयर वेवस्थापनांत अणभव (3) भौगोलिक (जीआयएस) रिमोट सेन्सिंगाचें गिन्यान आसूंक जाय. (4) मराठीचें गिन्यान.

## III.भलायकी सेवा संचालनालय

### A. भलायकी सेवा संचालनालय

1. **कनिश्ठ शल्यचिकित्सक** (Junior surgeon) **....1पद (हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी: 15,600 - 39,100 + 5,400** (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक –**(i) भारतीय वैजकी कायदो, 1956( 1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्याव परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका . (iii) पदविका धारकाक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान

2. **वैजकी अधिकारी (**Medical Officer) --------10 **पदां (1- एसटी 2- हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत, 7 अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी: 15,600 - 39,100 + 5,400** (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः –**(i) भारतीय वैजकी कायदो, 19 56(1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्या् परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 18(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. वा गोंय वैजकी महाविद्यालयाची(मॅडीको चिरूरजिया) पदवी आसूंक जाय. **(iii)** रोटेटिंग इंटर्नशीप पुराय करप सक्तीची आसा. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** (i) सामान्य वैजकी सराव (प्रक्टीस) वा संबंदीत खाशेलेपणांत जशे आसा ते प्रमाणें अणभव आसूंक जाय. (ii)मराठीचें गिन्यान

**नर्सिंग शिक्षणीक संस्थेंत ट्यूटर (Tutor in the Nursing Institution) ....** 2 **पदां (हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत) (10 वे फावटी)**

**वेतन श्रेणीः रू .** 9,3 00-34,800+ 4,200/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक –** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नर्सिंग विशयांत मास्टर्स पदवी आनी नर्सिंग विशयांत पदयुत्तर पदवीधर उमेदवार जरी उपलब्ध नासल्यार , मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नर्सिंग विज्ञानांत पदवीधर / विज्ञानांत पोस्ट बेसीक बॅचलर पदवी आनी तीन वर्सांचो अणभव , जातूंत एक वर्स नर्सिंग स्कुलांत/ कॉलेजींत शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** - मराठीचें गिन्यान.

## IV गोंय पुलीस खातें

**फॉरेन्सिक विज्ञान प्रयोगशाळेंत विज्ञानीक सहाय्यक आनी फोटोग्राफर (Forensic Assistant cum photographer in Forensic Science Laboratory)... .1पद (अनारक्षीत) 5 वे फावटी)**

**वेतन श्रेणीः** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें **पिराय**: 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक –** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणी द्वितीय श्रेणीत विज्ञान पदवी **(ii)** मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान फोटोग्राफींत डिप्लोमा वा आगावू फोटोग्राफींत सर्टिफेकेट कोर्स. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक – (i)** संगणकाचें साक्षर आसूंक जाय **(ii)** मराठीचें गिन्यान.

## V तंत्रीक शिक्षण संचालनालय

### गोंय कला महाविद्यालय

**फायन आर्टांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Fine Art)** … 1 **पद (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणीः**(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें) **पिराय**: 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक – (i)** संबंदीत शाखेत पयलें श्रेणी सयत बॅचलर्स आनी मास्टर्स पदवी वा दोनूय पदवींतल्या खंयच्याय एका पदवींत तत्सम पदवी आनी उण्यांत उणो दोन वर्साचो संबंदीत प्रोफेशनलांत अणभव आसूंक जाय. **(ii)** कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** – मराठीचें गिन्यान.

## I. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खातें

### गोंय राज्य उपभोक्ता तंटो निवारण आयोग

**वांगडी ........ 1 पद (अन- आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** अतिरिक्त सचिवाचे वेतन श्रेणी प्रमाणें उण्यांत उणी तत्सम श्रेणी राज्य सरकाराच्या वांगड्याक मेळटली आनी गिरायक संरक्षण मॉडेल 2020 च्या नेम 4(2) प्रमाणें(राज्य आयोग आनी जिल्लो आयोगाचे अध्यक्ष आनी वांगड्यांचो पगार,भत्ते आनी सेवेच्यो अटी) अश्या अधिका र्यांक मान्य आशिल्ले हेर भत्ते मेळटले.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक: अ.** गिरायक संरक्षण नेम 2020 च्या नेम 3(2) प्रमाणें एकाद्री व्यक्तीची पिराय चाळीस वर्सां परस उणी आसल्यार वांगडी म्हूण नियुक्ती खातीर पात्र थारचो ना;

**ब.** गिरायक संरक्षण नेम 2020 च्या नेम 3(2)(बी) प्रमाणें जिल्लो न्यायालयाचो वा खंयच्याय न्यायाधिकरणाचो पिठासीन अधिकारी म्हूण तत्सम स्तराचेर उण्यांत उणें धा वर्सांचो अणभव वा जिल्लो न्यायालय आनी न्यायाधिकरणांत एकत्रीत सेवा ; पन्नास टक्क्या परस चड न्हय अश्या वांगड्यांची नेमणूक करतलें ; मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची पदवी ; आनी क्षमता, प्रामाणीकता य आनी मानसम्मान आशिल्ली व्यक्ती आनी गिरायक वेव्हार, कायदो, भौशीक वेव्हार, प्रशासन, अर्थशास्त्र, वाणिज्य, उद्देग, वित्त, वेवस्थापन, अभियांत्रिकी, तंत्रगिन्यान, भौशीक भलायकी, वा वैजकी हातूंत उण्यांत उणे धा वर्सांचे विशेश गिन्यान आनी वेवसायीक अणभव आसूंक जाय;

**<u>गोंय राज्य उपभोक्ता तंटो निवारण आयोगांत अध्यक्ष आनी वांगडी पदां खातीर सुचोवण्यो</u>**

गोंय भौशीक सेवा आयोगान रचणूक केल्ल्या निवड समितीन सकयल दिल्ल्या तकट्यांत नमूद केल्ल्या प्रमाणें दोन पेपरांनी लेखी परिक्षेंत कामगिरीच्या आदाराचेर अर्जदाराची लघू वळेरी करतले, दरेकी पेपरांत पन्नास टक्के पात्रताय गूण आसतले आनी **<u>50 गुणांची व्हायवा परिक्षा आसतली.</u>**

| पेपर | विशय | चांचणेचें स्वरूप | चडांत चड गूण | कालावधी |
|---|---|---|---|---|
| पेपर- I | (a) सामान्य गिन्यान आनी चालंत वेव्हार<br>(b) भारताच्या संविधानाचें गिन्यान<br>(c) परिशिश्टांत दाखयल्ल्या प्रमाणें वेगवेगळ्या गिरायकां संबंदीत कायद्यांचें गिन्यान | उद्दिश्ट प्रकार | 100 | 2 वरां |
| पेपर- II | (a) वेपार आनी वाणिज्य गिरायक संबंदीत समस्या वा भौशीक वेव्हार ह्या विशयांतल्या वेंचून काडिल्ल्या विशयांचेर एक निबंद<br>(b) विश्लेक्षणाची क्षमता आनी ऑर्डरीचो ठोस मसुदो तयार करूंक गिरायक प्रकरणाची एक केस स्टडी | वर्णनात्मक प्रकार | 100 | 3 वरां |